Panaji Regional

14 August 2026 8:15PM

- स्वतंत्रताय दिसा निमतानच्या सुवाळ्यांत राष्ट्रध्वज हुबयताना राष्ट्रगीत ) गावचे पयलीं राष्ट्रीय गीत गावपाचे आदेश शिक्षण संचालनालयान दिल्या.
- विद्यार्थ्यांमदी संस्कार रुजोवपाची ,शिस्त लावपाची, शिक्षणाची आवड तयार करपाची जवाबदारी शिक्षकांची आसा अशे मुखेलमंत्र्यांनी म्हटलां.
- गोंय पुलिस ऑन ड्युटी आसतना आंगार गेल्यार खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी मुखेलमंत्र्यांनी दिल्या.
- कदंबा येरादारी म्हामंडळावतीन आयज नव्यो semi luxury श्रेणीच्यो 10 बसी प्रवाशांच्या सेवेत चालीक लायल्यात.

Independence Day Advisory (90)

स्वतंत्रताय दिसाच्या दबाजासंबंधी शिक्षण संचालनालयान राज्यांतल्या सगळ्या शाळांक राष्ट्रगीत आनी राष्ट्रीय गीता संबंधी म्हत्वाचे निर्देश जारी केल्यात. स्वतंत्रताय दिसा निमतानच्या सुवाळ्यांत, आनी खास करून राष्ट्रध्वज हुबयताना थारायिल्ल्या नेमांचे कडकपणान पालन करपाचो आदेश शिक्षण संचालनालयान दिल्या.

या परिपत्रकाप्रमाण, राष्ट्रध्वज हुबयताना राष्ट्रगीत ( - 'जन गण मन') गावचे पयलीं राष्ट्रीय गीत ( 'वंदे मातरम') गावप गरजेचे केलां. ताच्या उपरांत सुवाळ्याच्या योग्य पांवड्यार राष्ट्रगीत गायन जातले अशे सांगला. राज्यांतल्या सगळ्या सरकारी, सरकारी अनुदानित , बिगर अनुदानित , प्राथमिक, माध्यमिक, उच्च माध्यमिक आनी खाशेल्या शाळांच्या मुख्याध्यापकांनी ह्या नेमावळींचे पालन करचे अशें शिक्षण संचालनालयान मांगला.

CM On Primary Teachers- 114

विद्यार्थ्यांमदी संस्कार रुजोवपाची ,शिस्त लावपाची, शिक्षणाची आवड तयार करपाची जवाबदारी शिक्षकांची आसा अशे मुखेलमंत्री तशेंच शिक्षणमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयच्या प्रत्येक विद्यार्थ्यांक दर्जात्मक शिक्षण मेळचे म्हण सरकार शैक्षणिक पांवडयार बरी साधन सुविधा दिवपासयत, शिक्षकांचे प्रशिक्षण, तशेंच शाळांच्या व्यवस्थापनांक अर्थिक मजत दिवपाक महत्व दिता अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हळा. विकसित भारत करतना देशांची सुशिक्षित आनी शिस्त आशिल्ली नवी पिढी घडोवप ही शिक्षकांची मुखेल जवाबदारी जांवन आसा, खास करुन प्राथमिक शिक्षक हांतुन बालवयात आशिल्लया विद्यर्थ्याकं घडोवपाक महत्वाचे योगदान दिवपाक शकता अशे सांगताना त्यांच्यांनी म्हटलें...(byte) मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी आयज गोंय नोकर भरती आयोगावरवी  घेतिल्लया परीक्षेत पास जावंन , सरकारी प्राथमिक शाळेत शिक्षक म्हण नेमणुक जाल्लया 222 जणांक नियुक्ती पत्राचे वाटप जाले. ही कार्यावळ पणजे institute menezes Braganza सभाघरात जाली.

CM On Goa Police (157)

गोंय पुलिस हे संयमी आसात, मात तांच्या संयमाचो गैरफायदो घेत जर पुलीस ऑन ड्युटी आसतना कोणी तांच्या आंगार वचत, तशेंच कायदो आनी सुवेवस्थेचो वादग्रस्त प्रस्न निर्माण जाल्यार कडक कारवाय करपाची सुट आपणे घरमंत्री ह्या नात्यान गोंय पुलिशेक दिला. गोंय सुरक्षित दवरपाची जवाबदारी गोंय पुलिशेचेर आसा, मात ते तांचे काम करतना जर कोणी कायदो मोडपाचो यत्ज्ञ केल्यार तांची गय ह्यानफुडे करचे नात अशी शिटकावणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत दिल्या. तशेंच गोंय पुलिशेक लागपी आय.टी. सादन सुविधा,  बरी कार्यालयीन इमारत, आनी गस्त दवरपाक लागपी गाडयो सरकारान गोंय पुलिशेक सक्षम करपाखातीर दिल्यात अशे तांणी म्हळा.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी गोंय पुलिशेक 46 नव्यो महिंद्रा कंपनीच्यो बोलेरो मोटारी दिवपाची ,तशेंच 17 नव्या पुलिस उप- निरीक्षकांक नेमणुक पत्रा दिवपाची कार्यावळ आयज पणजे मुख्यालयात जाली. नव्या मोटारींचो उपेग म्हामार्ग पेट्रोलिंग, तशेंच पुलिसीच्या गस्त दवरपाच्या कामाक जातलो अशे पुलिस म्हासंचालक हांणी म्हणला. हे वेळार आलोक कुमार आनी पुलिस म्हानिरीक्षक वेद प्रकाश सुर्या तशेंच गोंय पुलिस कर्मचारी हाजीर आशिल्ले.

गोंयांत जावपी रस्तो अपघाता विंशी उलयतना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी येरादारीची नेम ना पाळील्यान तशेंच गाडी चलयतना मोबायलाचो उपेग केल्या कारणान 90 टक्के अपघात जातात अशे म्हणला. येरादारीचे नेम पाळचे असे आवाहन तांणी गाडयो चलोवपी नागरीकांक केला.

Kadamba Bus Inauguration (198)

कदंबा येरादारी म्हामंडळावतीन आयज नव्यो semi luxury श्रेणीच्यो 10 बसी प्रवाशांच्या सेवेत चालीक लायल्यात. मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी ह्या बसींचे आयज पणजे कदंबा बस स्थानकाचेंर लोकार्पण जाले. गोंयातली भौशिक येरादीर सेवा घटमुट करपाच्या हेतान ह्यो बसी सराकरान चालीक लायल्यात, येता त्या दसऱ्या मेरेन कदंबा म्हामंडळावरवी आंतर- राज्य रुटांचेर 6 Luxury Sleeper Coaches बसी कदंबा म्हामंडळ चालीक लायतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

कदंबा म्हामंडळावरवी प्रवाशांक सदीच्या प्रवासाखातीर सवलतीच्या तिकीट दरात पास सिस्टम, एपावरवी तिकीट बुकींग, तशेंच तिकीट फारीक करपाची सोय उपलब्ध करुन दिल्या. तशेंच खासगी बस मालकांक म्हजी बस येवजणेवरवी सवलती आनी अर्थिक मजत सरकार दिता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. कदंबाच्या बसींनी सदच्चे सुमार 4 लाख लोक प्रवास करतात अशी म्हायती तांणी हेवेळार दिल्या.

कदंबा म्हामंडळावरवी सुरु आशिल्ल्या बस सेवेत पोरण्यो बसी बदलुन नव्यो बसी घेवपाक येरादारी खाते महत्व दिता अशे येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी हे वेळार म्हणला. डिजला सयत इलेक्ट्रीक कदंबा बसीय आता सरकारान चालीक लायल्यात अशे मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी सांगलें.

जाल्यार कदंबा म्हामंडळावरवी पयलेच फावंट कदंबा ड्रयव्हर आनी कंडक्टर म्हण बायलांक लेगीत शिरविशेन घेतला अशी म्हायती कदंबा म्हामंडळाचे अध्यक्ष उल्हास तुयेकार हांणी दिली.

Digambar Kamat (123)

भोवशीक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी आयज मडगांव पालिकेत लोकांच्यो कागाळी आयकून घेतल्यो आनी चडशा प्रलंबित प्रस्नांचेर येवपी दिसांनी तोडगो काडपाचें उतर दिलें. प्रसार माध्यमांकडेन उलयतना कामत हांणी सांगलें की, चडश्यो गजाली पयलीच जाग्यार आयल्यात. तेच भाशेन सरकारी कर्मचाऱ्यांनी कसल्याच कारणाबगर फायली एका मेजावयल्यान दुसऱ्या मेजार घुंवडावच्यो न्हय, अशी शिटकावणीय दिली. “अशें करप्यांक हांव ही निमणी शिटकावणी दिता. म्हाका जर कोणूय परतून अशें करताना मेळ्ळो, जाल्यार ताचेर कडक कारवाई जातली,” अशें कामत हांणी सांगलें.

लोकांचो विस्वास संपादन करपाक सुशासन हो एक म्हत्वाचो निकश आसा, हाचेर भर दिवन तांणी म्हटलें की ल्हान-ल्हान प्रस्नांखातीर लोकांनी कश्ट घेवचे न्हय. “येवपी दिसांनी प्रशासन सारकें चलतलें हाची हांव खात्री करता. हांवें मडगांव पालिकेत एक नवी पद्दत सुरू केल्या आनी आतां कागाळी सामक्यो कमी जाल्यात,” अशेंय तांणी फुडें सांगलें.

Seed Balls Workshop (105)

सांखळी सरकारी महाविद्यालयात 'सिड बॉल्स ' म्हळयार बि-बियाणांचे गुळे तयार करपा विशीं आनी ताचो वापर करपा संबंधी आयज एका कार्यशाळेचे आयोजन केल्ले. गोवा राज्य जैवविविधता मंडळाच्या जोड पालवान ही कार्यशाळा जाली. राज्य जैवविविधता मंडळाच्यो वैज्ञानिक आणि प्रशासकीय अधिकारी रेश्मा केरकार हांणी "गोयांतली सिड बॉल्सची इकोलॉजी, सुरक्षितता आनी उत्कृष्ट पद्धती" ह्या विषयाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केले.

बि-बियाणांचे गुळे वापरताना घेवपाची काळजी आनी ताचे पर्यावरणावेले परिणाम ह्या विशीं रेश्मा केरकार हांणी माहिती दिली. चुकीच्या पद्धतीन ह्या तंत्राचो वापर केल्यार थळावी वनस्पत ना जावक शकता अशें तांणी सांगलें. ते खातीर बियांची निवड सारकी करची अशें तांणी मांगले. ह्या कार्यशाळेंत राज्यातल्या वेगवेगळया उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे आणि महाविद्यालयाचे विद्यार्थी सहभागी जाल्ले.

Weather (24)

हवामान खात्याच्या अदमासाप्रमाण, आयज आनी फाल्या गोयांन मध्यम नाजाल्यार हलक्या प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा, लेगून हवामान खात्यान पावसाची कसलीच शिटकावणी जारी करुंग ना.

Sports (37)

बीसीसीआयन सप्टेंबरांत भारता आड अफगाणिस्तान टी-20 आंतरराष्ट्रीय मालिकेची पुष्टी केल्ल्या. इतले मजगती, फाटल्या फेरयेंत जाल्ल्या हारीतल्यान उबो रावन भारतीय ग्रॅण्डमास्टर आर. आर. प्रज्ञानंद हाणे ‘सिंकफील्ड कप’ च्या चवथ्या फेरयेंत जैत मेळयलें.